Panaji National 4th April 2025 8.40am

- वक्फ दुरुस्ती विधेयक 2025 संसदेन संमत जालां.

- मणिपूरांत राष्ट्रपती राजवट लागू करपाच्या संवैधानिक थारावाक संसदेन मान्यताय दिल्या.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज थायलंडांतल्या बँकॉकांत जावपी 6व्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेतले.

- आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक ८० धावंड्यानी हारयलो.

**PARLIAMENT- WAQF BILL - 130**

वक्फ दुरुस्ती विधेयक 2025 संसदेन संमत जालां. 12 वरांच्या चर्चे उपरांत आयज राज्यसभेन ताका मान्यताय दिल्या. 128 वांगड्यांनी दुरुस्ती विधेयकाच्या फावोरांत जाल्यार 95 वांगड्यांनी ताचे आड मतदान केलें. हें विधेयक लोकसभेन पयलींच संमत जालां. वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 चो हेतू वक्फ मालमत्तेचें वेवस्थापन सुलभ करपाचो आसा, तातूंत दायज स्थळांची राखण करपाची आनी समाजीक कल्याणाक चालना दिवपाची तरतूद आसा. तशेंच मालमत्ता वेवस्थापनांत पारदर्शकता वाडोवप, वक्फ मंडळां आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां मदलो समन्वय सुगम करप आनी भागधारकांच्या हक्कांची राखण करून शासन सुदारपाचोय ह्या कायद्याचो हेत आसा. ह्या विधेयकाचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, ह्या कायद्याचो फायदो कोट्यवधी गरीब मुस्लिमांक जातलो. तांणी सांगलें, कायदो वक्फ मालमत्तेंत हस्तक्षेप करिना.

चर्चेत भाग घेतना काँग्रेसचे डॉ. सय्यद नसीर हुसेन हाणी म्हळें कि, हे विधेयक दिशाभूल करपी आसा आनी सांप्रदायिक ध्रुवीकरणाच्या उद्देशान हाडला.

Manipur – 70

मणिपूरांत राष्ट्रपती राजवट लागू करपाच्या संवैधानिक थारावाक संसदेन मान्यताय दिल्या. राज्यसभेन आज सकाळीच ते मंजूर केले. हो प्रस्ताव अंदु वर्सा  १३ फेब्रुवारीक संविधानाच्या कलम ३५६ (१) अंतर्गत मणिपूरात राष्ट्रपती राजवटीच्या घोषणे कडेन संबंधित आसा. लोकसभेन ताका पयलींच मान्यताय दिल्या. ह्या प्रस्तावाचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलें, फाटल्या वर्सा नोव्हेंबर सावन मणिपूरांत कसलोच हिंसाचार जाव ना. परिस्थिती हाताळपाक अपेस आयिल्ल्यान मणिपूरांत राष्ट्रपती राजवट  लागू केली  असो विरोधकांनी केल्लो आरोप तांणी खंडीत केलो.

PM Thailand – 200

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज थायलंडांतल्या बँकॉकांत जावपी 6व्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेतले. परिशदेचो विशय आसा बिमस्टेक - समृध्द, लवचीक आनी समावेशक. बँकॉक व्हिजन डॉक्युमेंट 2030 ह्या शिखर सभे वेळार मान्य जातलो आनी फुडल्या रणनितीचो आराखडो तयार करपा खातीर बिमस्टेक नामनेच्या व्यक्ती गटाच्या अहवालाकय मान्यताय मेळटली.  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल थायलंडाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर बँकॉकात पावले. थायलंडाच्यो प्रधानमंत्री P शिनोवात्रा हांचे बरोबर तांणी द्विपक्षीय उलोवणी केली. भारत आनी थायलंड हांचे मदल्या द्विपक्षीय सहकार्याच्या वेगवेगळ्या मुद्दयांचो तांणी नियाळ घेतलो. राजनीतिक,संरक्षण आणि सुरक्षा भागीदारी, धोरणात्मक संबंध, व्यापार आणि गुंतवणूक आणि लोकां मदीं संपर्क वाडोवपाचे उपाय हांचेर चर्चा जाली. भलायकी, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण, डिजिटल तंत्रगिन्यान, शिक्षण, संस्कृताय आनी पर्यटन ह्या मळार सहकार वाडोवपाचेर भर दिलो. हाचे भायर जागतीक प्रस्नांचेरूय चर्चा जाली आनी बिमस्टेक,आसियान आणि मेकाँग

गंगा सहकार्या सयत प्रादेशिक आनी बहुपक्षीय मंचांचेर संवाद वाडोवपाच्या उपायांचेरूय चर्चा जाली.

बिमस्टेक शिखर सभे उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या पावडयात आयज श्रीलंकेक भेट दितले. श्रीलंकेच्या तीन दिसांच्या भोंवडेंत ते राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमार डिसानायके हांचे बरोबर द्‌विपक्षीय उलोवणी करतले. राष्ट्राध्यक्ष डिसायके हांणी पदभार स्वीकारल्या उपरांत पयली परदेश भेट म्हणून भारताक भेट दिल्ली. दोनूय देशांमदीं खोल इतिहासीक आनी संस्कृतीक संबंद आसात, ते कालांतरान आनीकूय घटमूट जाल्यात. भारताच्या नेबरहुड फर्स्ट धोरणांत श्रीलंकेक म्हत्वाची सुवात आसा.

GOYAL- STARTUP MAHAKUMBH - 96

देशांतल्या गुंतवणुकदारांक देशांतल्या स्टार्टअप वेवस्थेचो भाग जावपाचो उलो वाणिज्य आनी उद्‌देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी मारला. गोयल हाणी काल नवी दिल्लीचत भारत मंडपमात स्टार्टअप महाकुंभाच्या दुसऱ्या आवृत्तीचें उक्तावण केलें. चालू वित्तीय वर्साच्या निमाणे मेरेन भारत संवसारांतली चवथी व्हडली अर्थवेवस्था जातली अशी आशा गोयल हाणी उक्तायली. तीन हजारां परस चड स्टार्टअप, सुमार एक हजार इनक्युबेटर आनी एक्सीलरेटर आनी उद्‌देगाचे प्रतिनिधी स्टार्टअप महाकुंभांत वांटो घेतात, जाका लागून हें नवनिर्माण दाखोवपाचें संवसारांतलें सगळ्यांत व्हडलें प्लॅटफॉर्म जालां. या ३ दिसांच्या कार्यक्रमा वेळार, सगळ्या स्टार्टअप्सक सरकारी ई-मार्केटप्लेस (GeM) चेर विक्री सुरू करपाक तयार करपा हेतान वाणिज्य आणि उद्‌योग मंत्रालयाकडल्यान मदत दितात.

RBI – 55

डॉ. पूनम गुप्ता हांची  रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाच्यो डेप्युटी गव्हर्नर म्हणून नियुक्ती केल्या. त्यो नवी दिल्लीतल्या नॅशनल कौन्सिल ऑफ अप्लाइड

इकॉनॉमिक रिसर्चच्या डायरेक्टर जनरल म्हणून काम काम करताली. तांणी ह्या महिन्याच्या १ तारखेक तीन वरसांच्या कालावधीखातीर आरबीआयच्यो डेप्युटी गव्हर्नर म्हणून पदभार स्वीकारलो. जानेवारी २०२५त मायकल पात्रा हाणी डेप्युटी गव्हर्नर पदाचो राजीनामो राजिनामो दिल्ल्यान हें पद रितें आशिल्लें.

LS coastal shipping – 50

लोकसभेन कोस्टल शिपिंग विधेयक, २०२४ संमत केलां.भारताच्या दर्या शिमे भितर वेपार करपी जहाजांचेर नियंत्रण दवरपाचो हे विधेयकाचो हेत आसा. विधेयकांत दर्यादेगेवेलें उदक म्हळ्यार भारताचें प्रादेशिक आनी लागसारच्या सागरी क्षेत्रातले उदक. या विधेयकाचो उद्देश किनारी नौवहन नियमनाकडेन संबंधित कायद्याचे एकत्रीकरण आणि सुधारणा करप, किनारी व्यापाराक चालना दिवप आणि देशांतर्गत सहभागाक प्रोत्साहन दिवप आसा.

WB – 100

अस्तंत बंगालांतल्या 25000 परस चड शिक्षक आनी हेर कर्मचाऱ्यांची नेमणूक रद्द जाल्ल्यान तृणमूल कॉँग्रेस सरकाराचेर विरोधी पक्षांनी टिका केल्या. भाजपान मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी राजिनामो दिवचो अशी मागणी केल्या. हे घडणुकेक मुख्यमंत्री जापसालदार आसात अशें विरोधी पक्ष फुडारी सुवेन्दु अधिकारी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टत म्हळां.

कॉँग्रेस आणि डाव्या पक्षांनीय ह्या घोटाळ्या खातीर राज्य सरकाराचेर टिका केल्या. मजगतीं, सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण 3 म्हयन्यां भितर नवी भरती जातली अशें मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी सांगलें. काल सर्वोच्च न्यायालयान स्कुल सेवा आयोग परिक्षा 2016 खाला 25,752 शिक्षक आनी हेर कर्मचाऱ्यांची नेमणूक अवैध थरयल्या. सर्वोच्च न्यायालयान कलकत्ता उच्च न्यायालयान या आदी दिललो आदेश कायम दवरला.

Uttarakhand dham – 55

उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांत आशिल्ल्या यमुनोत्री धामाचीं दारां अक्षय तृतीया दिसा म्हळ्यार 30 एप्रीलाक भक्तां खातीर उक्तीं करतले. काल यमुना जयंती निमतान खरसाळींत आशिल्ल्या देवळाच्या पुजाऱ्यांनी धामाचीं दारां उक्तीं करपाची तारीख जाहीर केली. तशेंच 30 एप्रीलाक गंगोत्रीचीं दारां भक्तां खातीर उक्तीं जातलीं, जाल्यार 2 मे दिसा केदारनाथ धामाचीं दारां आनी 4 मे दिसा बद्रीनाथ धामाचीं दारां उक्तीं जातलीं.

Jal shakti – 110

केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी.आर. पाटील हांणी काल नवी दिल्लींत श्रम शक्ती भवनात उदका संसाधन गणनेचो application आनी पोर्टल जाहीर केले. उदका संसाधन गणनेचे application आनी पोर्टल जायत्या गणना येवजण्यांक आदार दितात. ह्या येवजण्यांनी सातवी ७वी लघु सिंचन गणना, जलसाठ्यांची दुसरी गणना, झऱ्यांची पयली गणना आणि मोठ्या आणि मध्यम सिंचन प्रकल्पांची पयली गणना हांचो आस्पाव जाता.

जलशक्ती मंत्रालयान सांगले की, जलसंपदा गणनेचे मुख्य उद्दिष्ट सिंचन क्षेत्रात प्रभावी नियोजन आणि धोरणनिर्मिती खातीर एक व्यापक आणि विश्वासार्ह डेटाबेस तयार करप आसा, जातूंत उदक वापर कार्यक्षमता, पाणी बजेट इत्यादींचो आस्पाव आसा. डेटा एकठांय करपाक आनी प्रमाणीत करपाक
डिजिटल application केल्ल्यान म्हायतीची अचूकता खूब वाडटा आनी तेच बरोबर गणना करपाक लागपी वेळ उणो जाता.

IMD – 45

भारतीय हवामान खात्यान आयज तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, आनी दर्यादेगेवेल्या आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटकात काय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान अस्तंत राजस्थान आनी गुजरातांतल्या काय वाठारांनी कालोराच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. गुजरात,

कोंकण, गोयांत आयज कालोर जावपाची  आनी दमट हवामानाची  खूब शक्यताय आसा.

IPL – 40

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल कोलकातातल्या ईडन गार्डन्स मैदानात जाल्ल्या खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक ८० धावंड्यानी हारयले.  आयज लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमात लखनौ सुपर जायंट्स आनी मुंबई इंडियन्स पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.

Mandviya – 110

कुशळटाय विकसीत करून देशाचे उदरगती खातीर वावुरचें अशें आवाहन युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडाविया हांणी केलां. नवी दिल्लींत विकसीत भारत युवा संसद 2025 च्या समारोप सुवाळ्यात उलोवप करतना मांडविया हांणी सांगलें की, तरणाटे देशाचे फुडार आनी देशाच्या उदरगतींत तांची भुमिका म्हत्वाची आसा. अंदूंची युवा संसद प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसीत राष्ट्र उबारपाच्या दृश्टीकोना प्रमाण आसा अशें युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा खडसे हांणी सांगलें.